GOA BOARD OF SECONDARY AND HIGHER SECONDARY EDUCATION,
ALTO, BETIM, GOA 403501

SUBJECT: KONKANI R1 GRADE:9 ACADEMIC YEAR:2026-2027

| अभ्यासक्रमांतल्यान कितें अपेक्षीत आसा ( CO’s) | | |
|---|---|---|
| अ.अ | 1. | ***आयकप, उलोवप-*** फुडल्या पांवड्यार विद्यार्थ्यांक तांच्या आवडी प्रमाण आनी गरजे प्रमाण कोंकणीचो अभ्यास करपाक मेळटलो आनी कोंकणींतल्यान उलोवंक आनी बरोवपाक मेळटलें. भाशेच्या कुशळटायेक लागून तांकां उच्च माध्यमीक पांवड्यार विज्ञान, सामाजीक शास्त्र आनी हेर अभ्यासक्रमां कडेन परस्पर संबंद स्थापन करपाक मेळटले. |
| अ.अ | 2. | ***वाचप-*** साहित्याचे प्रकार वाचून स्वतंत्रपणान आनी तोंडी आपले विचार मांडपाक मेळटले. |
| अ.अ | 3. | ***बरोवप-*** दिसपट्ट्या जिणे कडेन वेव्हार करपाक, अर्ज बरोवंक, वेगवेगळ्या प्रकारचीं पत्रां/ई-मेल बरोवंक,कसलीय कागाळ दाखल करपाक भुरग्याक सोंपें जातले. |
| अ.अ | 4. | ***भोवभाशीक आनी संस्कृतायेचेर भर-*** परकी भाशां सयत वेगवेगळ्या भारतीय भाशांच्या संस्कृतायेची विविधताय वळख करून दिवप. |
| अ.अ | 5. | ***नैतिक(नितीक) आनी सामाजीक मुल्यांचो प्रसार-*** जात, धर्म, लिंग, राश्ट्रीयता, प्रदेश आदी संबंदीत पूर्वग्रहांक लागून तयार जाल्ल्या रूढिवादांच्या भाशीक, सामाजीक अभिव्यक्ती विशीं जागृताय निर्माण करता. |

| शिकोवपाची शिकपाची प्रक्रिया<br>शिकपाचे परिणाम (LO’s) | | |
|---|---|---|
| शि.प | 1. | घोशणा, सुचोवण्यो आयकता, म्हायती, सार आनी तपशीलां खातीर मजकूर, ऑडियो आनी व्हिडियो मोट्यान वाचता; ते प्रमाण प्रस्न आयकून जाप दिता. |
| शि.प | 2. | निश्कर्श काडटा, अर्थ लायता वेगवेगळ्या संदर्भांत साहित्यीक/बिगर साहित्यीक विशय आयकता आनी भासाभास करता. |
| शि.प | 3. | विचार, मतां मौखीक रितीन मांडटा. |
| शि.प | 4. | योग्य व्याकरण वापरून योग्य उच्चार, विरामचिन्नां घेवन आडखळ नासतना उलयता. |
| शि.प | 5. | भासाभास, उलोवप, चर्चा, पावर पॉयंट सादरीकरण, रेडिओ कार्यावळ, मुलाखत, आदी आयकतात. |
| शि.प | 6. | विरामचिन्नांचो वापर करून योग्य रितीन वाचन करता. |
| शि.प | 7. | दिल्लो मजकूर/सामग्री समजून घेवपाखातीर निश्कर्श काडटा आनी सारांश तयार करता. |
| शि.प | 8. | मनांतल्या मनांत वाचून समजून घेता आनी उतरांचे अर्थ समजून घेता. |
| शि.प | 9. | दिल्ल्या विशयाचेर योग्य शब्दसंग्रह आनी व्याकरण वापरून लघुत्तरी जापो, परिच्छेद, नियाळ बरयता. |
| शि.प | 10. | औपचारीक आनी अनौपचारीक पत्रां बरयता, आमंत्रणां, जायराती, सुचोवण्यो, घोशणा, संदेश, आनी ई-मेल बरयता. |
| शि.प | 11. | पर्यावरणाचें संवर्धन, बाल मजूरी, घुंवळी वखदांचो वायट परिणाम, साक्षरतेचो प्रसार, बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ अभियान, स्वच्छ भारत अभियान, ह्या सामाजीक विशयांचो प्रसार करपा खातीर संवाद बरयात, एकांकी बरयता आनी रस्तो नाट्यांत वांटो घेता. |
| शि.प | 12. | बरोवन घेतना योग्य विरामचिन्नांचो वापर करता आनी योग्य शुध्दलेखन वापरता. |
| शि.प | 13. | टी. व्ही वयल्यो खबरो आयकून नोंद करता आनी चर्चा, उलोवप सारांश तयार करता. |
| शि.प | 14. | शाळे भोंवतणी आशिल्ल्या सुवातीक भेट दिता आनी लायिल्ल्यो जायराती, तकटे वाचता आनी समजून घेता. |
| शि.प | 15. | विचार संघटीत करता आनी रचणूक करता, वेगवेगळ्या प्रेक्षकां खातीर आनी उद्देशां खातीर वेगवेगळ्या तोंडी आनी बरयल्ल्या रुपांत म्हायती आनी मतां सादर करता. |
| शि.प | 16. | थळ, सुवाती, जागे वळखुपा खातीर नकासो समजून घेता. |

| | | |
|---|---|---|
| शि.प | 17. | योग्य विरामचिन्नां, व्याकरण आनी योग्य शुध्दलेखन आशिल्ले उतारे संपादीत करता. |
| शि.प | 18. | लिखाणांत व्याकरणाचो वापर करता. |
| शि.प | 19. | नवीं उतरां, वाक्प्रचार, म्हणी / ओपारीचो संदर्भा सयत वापर करता. |
| शि.प | 20. | शब्दकोश वापरून वेगवेगळ्या उतरांचे अर्थ समजून घेता. |
| शि.प | 21. | समाधान / सूख मेळोवपा खातीर साहित्यीक ग्रंथ वाचता आनी पात्रां, विशय, कथानक, आनी घडणुकांची तुळा आनी अर्थ समजून मत मांडटा. |
| शि.प | 22. | अर्थ लावन आनी साहित्यीक प्रकार समजून घेवन वेग-वेगळ्या साहित्य प्रकारांचीं विशिश्ट खाशेलपणां स्पश्ट करता. |
| शि.प | 23. | म्हत्वाचे साहित्यीक घटक वळखता आनी तोखणाय करता जशे की, रूपक, प्रतिमां, प्रतिकां, उपमा, आदी. |
| शि.प | 24. | दिल्ल्या विशयाचेर वा स्वताच्या हातान लघुकथा बरयता आनी कविता रचता. |
| शि.प | 25. | प्रामाणीकपण, सहकार, देशभक्ती, आनी वेगवेगळ्या विशयांचेर उलयतना आनी बरयतना हीं मुल्यां कृतींत आनी वेव्हारांत हाडटा. |
| शि.प | 26. | मजकूर समजून घेवन व्दिभाशीक वा भोवभाशीक क्षमता वापरून<br>अणकार आनी व्दिभाशीक कार्यावळींनी वांटो घेता आनी वेगवेगळ्या विशयांचेर विचार मांडटा. |
| शि.प | 27. | समावेशक अध्यायनांत अपंगत्व आशिल्ल्या वांगडयां कडेन संवाद सादपाक सांकेतिक भाशेचो वापर करता. |
| शि.प | 28. | दिल्ल्या विशयाचेर वा स्वताच्या हातान लघुकथा बरयता आनी कविता रचता. |
| शि.प | 29. | भोवभाशी वर्गांत आनी समाजांत हेर भासांचीं सारकेपणा आनी फरकांची तोखणाय करता. |
| शि.प | 30. | मजकूरांतल्या सांस्कृतीक अणभवांक आनी विविधतायेक वळखता आनी ताची तोखणाय करता आनी तोंडी आनी बरयल्लीं सादरीकरणां करता. |

| सुचयल्लीं शिक्षणीक प्रक्रिया (Pe.P) | | |
|---|---|---|
| शि.प्र | 1. | ऑडियो/व्हिडियो स्क्रिप्ट, मजकूर मोट्यान वाचप आनी आयकल्लें/ पळयल्लें समजून घेवपाच्या आनी अनुमानात्मक प्रस्नांक जाप दिवप. |
| शि.प्र | 2. | उलोवपांत स्वर/आवाजांत चड उतार /ताण आदी वापरून आयकुपाचें कौशल समजूत विकसीत करपाक इंग्लीश खबरो, चित्रपट, गितां, नाटकां, भुमिका-नाट्य, इंटरनॅटावेलीं उलोवपां आदी साधनांचो वापर करप. |
| शि.प्र | 3. | वेगवेगळया विशयांचेर लोकांक मेळून भासाभास करप वा भासाभास आयकप. |
| शि.प्र | 4. | शाळेंत जावपी प्रदर्शनां, वर्सुकी दीस उत्सव, वादविवाद सर्ती, प्रस्नमाची सर्ती आनी खेळांचे सर्ती हांतीत वांटो घेवप. |
| शि.प्र | 5. | शाळेच्या कार्यावळींनी निवेदन करप, प्रस्नावळ तयार करून लोकांच्यो मुलाखती घेवप, मुखेल उलोवप्याची वळख घडोवप, बातमी तयार करून वर्गांत वा शाळेंच्या सभेंत सादर करप. |
| शि.प्र | 6. | चर्चा घडोवन हाडप आनी तातूंत वांटो घेवप, नदर वा वाद सादर करप, तर्कशास्त्र हांचे कडेन विपरीतताय उक्तावप, प्रक्रियेंत समस्या सोडोवपाची आनी तर्क काडपाची तांक विकसीत करप. |
| शि.प्र | 7. | उतरांचें सारकें उच्चारण करून कविता सादर करप. |
| शि.प्र | 8. | संदेश दिवपा खातीर लघु- नाटय, रस्तो- नाटय बरोवपाक ऑडियो-व्हिडियो वा मजकूर साहित्य वापरप. |
| शि.प्र | 9. | शब्दकोश, नेमाळीं, विश्वकोश आनी इलॅक्ट्रॉनीक माध्यमांचो संदर्भ घेवन, ग्रंथालयाक भेट दिवन आनी कोंकणी भाशेची कुशळटाय आनी शब्द भांडार वाडोवपा खातीर वेगवेगळया साधनांचो संदर्भ घेवचो. |
| शि.प्र | 10. | वर्गांत वाचिल्ल्या उतरांचेर आनी भासाभास करतना प्रस्न विचारप; दर एकल्याचें थंडपणान आयकून घेवप आनी तांकां आपले विचार मांडपाक दिवप. |
| शि.प्र | 11. | वर्गाच्या भायर बाजारांत, टपाल कचेरींत आदी, भोंवतना आयकल्ले भाशेचे अणभव सांगचे. |
| शि.प्र | 12. | सदांचे जिणेंत आयकतना उलयतना येवपी वेगवेगळी खेळाची, संगीत, जेवण, बागकाम हे संबंदात येवपी उतरावळ समजून घेवप. |
| शि.प्र | 13. | कथा वाचप आनी सांगप, घडणुकांचें वेवस्तीत आनी क्रमवार वर्णन करप. |
| शि.प्र | 14. | लक्ष दिवन योग्य विरामचिन्नांचो वापरून श्रुतलेखन घेवचें. |
| शि.प्र | 15. | वर्गांत भासाभास करतना श्रवण कौशल्य विकसीत करपाखातीर एकद्रो उतारो / लेख मोठया आवाजांत वाचप वा टी. व्हिवेल्यो खबरो आयकुपाक दिवन ताचेर कसो सारांश बरोवप तें समजावप. |

| | | |
|---|---|---|
| शि.प्र | 16. | दिका, जागो आनी अंतर समजून घेवपाक नकाशाचो वापर करचो,<br>डेटा कसो दिला तें जाणून घेवपा खातीर आलेख, आकृतीबंध, आनी कोश्टकां समजून घेवप. |
| शि.प्र | 17. | पुस्तकांतल्या ज्वलंत विशयांक संवसारांतल्या विशयां कडेन जोडून ताचेर शक्य ते परी उपाय काडपाचेर विचार करप. |
| शि.प्र | 18. | उत्सवा खातीर जायराती आनी आमंत्रण पत्रां डिझायन करप, ऑडियो-व्हिडियोचो आदार घेवन हवामानाचो, खबरांचेर चर्चा तयार करून अहवाल सादर करप. |
| शि.प्र | 19. | कल्पनांची नोंद करप, आराखडो वा रुपरेखा तयार करप, पयलीं मसुदो बरोवप, संपादीत करप, सुदारणा करून सगळो आराखडो तयार करप (ल्हान आनी ल्हान उतारे / परिच्छेद, सुचोवण्यो आनी अहवाल बरोवपा खातीर, ह्यो प्रक्रिया वापरप). |
| शि.प्र | 20. | दिल्ल्या व्हिज्युवलांतल्या इनपुटांतल्या आनी आलेखांचो वापर दिल्ल्या सुचोवण्यो मतींत धरून उतारे / परिच्छेद बरोवप. |
| शि.प्र | 21. | अक्षरां, स्वल्पविराम, अर्दविराम, उलट स्वल्पविराम, व्याकरण आनी योग्य शुध्दलेखन अशीं फावो तीं विरामचिन्नां वापरून स्वताच्या वा समवयस्कांच्या बरपावळींचें संपादन करप. |
| शि.प्र | 22. | वैयक्तीक, जोडी आनी गट वाचनांतल्यान वेगवेगळ्या प्रकारच्या ग्रंथांक एन्कोड आनी डिकोड करपाक समजून घेवप आनी शिकप. |
| शि.प्र | 23. | व्याकरणाचे कार्य, समजून घेवप निरिक्षणाच्या आनी वळखुपाच्या प्रक्रियेतल्यान भाशेंत (उलोवप आनी बरोवप ) व्याकरणाच्या उपेगाची अचूकता समजून नेमाकडेन पावप. |
| शि.प्र | 24. | वेगवेगळ्या संदर्भ आनी विशयांकडेन संबंदीत उतरावळ. तशेंच संगणक संग्रहीत शब्द जाळे, विशयाक संबंदीत उतरावळ, उतर कुवाडी हांचो परिचय करून दिवप. |
| शि.प्र | 25. | म्हणी- ओपारी वाक्प्रचार, हांचो वापर आनी वळख आसप गरजेचें. |
| शि.प्र | 26. | सर्जनशीलता आनी कल्पनिशकता हांचो वास्तविक जिणेंत स्वताक व्यक्त करतना भाशण आनी बरोवपाच्या माध्यमातल्यान उपेग करप. |
| शि.प्र | 27. | प्रसंग, तकटे, शब्दीक, संकेत, चित्रां हांच्या आदारान जात्रांचे वर्णन करून काणयो घडोवप. |
| शि.प्र | 28. | भारतीय / पाश्चात्य संगीत, कवितांच्या प्रकारांचो उपेग वापर करप.  प्रतिकां, उपमां हांचो वापर करप. |
| शि.प्र | 29. | भुरग्यांक वेगवेगळ्या कवितांचो प्रकार जशें गीत, कथाकाव्य, दिल्ल्या विशया वयल्यो कविता, हास्य कविता हांचे भांडार उगते करप. तांकां कवितेंतल्या उतरांनी सूचित केल्ले आवाज, कुरू, उपमा, रूपक, अलंकार, हांची जाणीव करून दिवप. |
| शि.प्र | 30. | तुळां (तुलना), संकेत, कवी वा लेखकाचो दिश्टीकोण, तशेंच लेखकाचें साहित्य वळखप. |
| शि.प्र | 31. | अंत : विशय स्वरूप गट वा वैयक्तिक कार्य हातांत घेवन सामाजीक, संस्कृतीक आनी सामान्य विशयांचेर भाशीक काम करप, संकल्प करप,  प्रक्रिया करप, विश्लेशण करप, म्हायतीचो अर्थ लावप, आनी मागीर मौखीक आनी बरोवप सादरीकरण करप. |

| | | |
|---|---|---|
| शि.प्र | 32. | सोशिकसाण, विविधताय आपणावप, नागरी जापसालदारकी, वादविवाद आनी चर्चेंतल्यान निर्मित देशभक्ती, तशेंच नितीक मुल्यांचेर आदारीत वाचत ह्या मूळ मुल्यांक समजावन घेवन प्रोत्साहीत करप. |
| शि.प्र | 33. | दिव्यांग, वा विशेश गरजो आशिल्ल्या भुरग्यां खातीर स्पर्शीक माध्यमांतल्यान दिल्ल्या नकाशाचेर गांव, शारां, देश हांची दिशा वळखुपाच्या संकल्पनेचें अनुसरण करप. |
| शि.प्र | 34. | पर्यी वाचन सामग्री म्हल्यार ब्रेल लिपींतली पुस्तकां, कविता, व्यंगचित्रां, ग्राफिक सादरीकरणां, दृक श्राव्य किती (Tapes) उपलब्ध करून दिवप. समाजा कडेन संबंदीत विशयांकडेन उलोवपा खातीर दृक श्राव्य माध्यमां उपलब्ध करून दिवप. |
| शि.प्र | 35. | सांकेतिक भास वा सायन लंग्वेज शिकून आयकुपाची कमतरता आशिल्ल्या भुरग्यां कडेन संवाद सादप आनी शाळेंत सर्वसमावेशक वातावरण तयार करप. |
| शि.प्र | 36. | द्विभाशीक आनी भोवभाशीक पध्दती वापरून विचारांचे आदान- प्रदान आनी म्हायतीचो प्रसार करप. ते खातीर ICT, PPT, भुमिका नाटक, रस्तोनाटय, नाटक, हस्तलिखीतां हांचो उपेग करप. |

GOA BOARD OF SECONDARY AND HIGHER SECONDARY EDUCATION,
ALTO, BETIM, GOA 403501

SUBJECT: KONKANI R1 GRADE:9 ACADEMIC YEAR:2026-2027

# CURRICULAM OF KONKANI R1 FOR GRADE 9
# ACADEMIC YEAR 2026-2027

| पयलें सत्र | | | |
|---|---|---|---|
| SR.NO. | **गद्य-24 marks** | SR.NO. | **पद्य-12 marks** |
| 1. | कवाथो | 1. | देवा म्हज्या देवा |
| 2. | यशाची चावी | 2. | पावस |
| 3. | पुरण शेत | 3. | ओळख |
| 4. | सोरोप, समज गैर समज | 4. | उठ तरणाट्या |
| 5. | स्वायन फ्लू एच 1 एन 1 | 5. | तळपाचे माळयेक जलामली कनक |
| 6. | प्लॉट | | |
| | | | |
| | **व्याकरण-16 marks** | | **रचना-28 marks** |
| | • विकारी उतरां (नाम, सर्वनाम, विशेशण, क्रियापद)<br>• वाक्प्रचार<br>• लिंग वळखप / बदलप<br>• उरफाटीं उतरां<br>• वचन वळखप / बदलप<br>• विशेशणां करप<br>• अविकारी उतरां<br>• अव्यय घालून दोन विधानां तयार करप<br>• अव्यय काडून एक विधान करप<br>• अव्ययांची वाक्यां तयार करप | | • निबंद<br>• अणकार<br>• नोकरेचो अर्ज (job application)<br>• काणी<br>• उतारो (पठीत आनी अपठीत )<br>• संवाद<br>• वेव्हारीक चीट |

# दुसरें सत्र

| SR.NO. | **गद्य-24 marks** | SR.NO. | **पद्य-12 marks** |
|---|---|---|---|
| 1. | खौली पासाचे वाटेन | 1. | खंय गेलो म्हजो गांव |
| 2. | ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेतो रविंद्रबाब | 2. | नया वर्ष |
| 3. | इश्टांनो, सांबाळून | 3. | जुजे नेणार |
| 4. | म्हजे यादिंतलो जनमत कौल | 4. | इश्टागत |
| 5. | छातीवंत चिन्नां | | |
| 6. | जागर | | |
| | | | |
| | **व्याकरण-16 marks** | | **रचना-28 marks** |
| | • लिंग वळखप/बदलप<br>• भावनामां करप<br>• काळ वळखप/ बदलप<br>• अव्यय<br>• वाक्प्रचार<br>• वाक्य शुद्ध करप<br>• उतरांची मांडावळ<br>• हयकारी/ न्हयकारी<br>• विशेशणां करप<br>• उरफाटीं उतरां | | • चीट वेव्हारीक<br>• उतारो (पठीत आनी अपठीत )<br>• अणकार<br>• संवाद<br>• आपोवणें (invitation)<br>• नोकरेचो अर्ज (job application)<br>• निबंद<br>• मुलाखत (10-12 प्रस्न घडोवंक शिकोवचें. ) |

**GOA BOARD OF SECONDARY AND HIGHER SECONDARY EDUCATION, ALTO, BETIM, GOA 403501**

**SUBJECT: KONKANI R1 GRADE:9 ACADEMIC YEAR:2026-2027**

# KONKANI LANGUAGE COMPETENCIES

कोंकणी विद्यार्थ्यांमदीं सकयल दिल्ल्यो मुखेल क्षमता विकसीत करप अपेक्षीत आसा.

**1.** भाशेची कुशळतायः

क) संभाशण कौशल्यः विद्यार्थ्यांक कोंकणी भाशेंतल्यान मौखीक आनी लिखीत स्वरूपांत प्रभावीपणान संवाद सादपाक मेळपाक जाय. तातूंत ताचे विचार आनी भावनां स्पश्टपणान आनी आत्मविस्वासान उक्तावप गरजेचें आसता.

ख) शब्द-भांडारः विद्यार्थ्यांचे शब्द-भांडार गिरेस्त आसपाक जाय आनी ती तो वेग-वेगळ्या संर्दभांत योग्य रितीन वापरपाक शकपाक जाय. ताका वाक्प्रचार, म्हणी, ओपारी सयत विंगड- विंगड शब्द-भांडार समजून घेवून वापरपाक कळपाक जाय.

**2.** व्याकरणः

विद्यार्थ्यांक कोंकणी व्याकरणाचे खोलायेन गिन्यान आसपाक जाय. आपल्या उलोवपांत आनी लिखाणांत योग्य रितीन वापरपाक कळूंक जाय. हातूंत वाक्य रचणूक, क्रियापद वा हेर व्याकरणीक नेम समजून घेवन प्रभावीपणान वापरपाक कळूंक जाय.

**3.** सांस्कृतीक समजूतः

सांस्कृतीक जागृतायः- कोंकणी भाशे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाची समजूत आनी वळख विद्यार्थ्यांक मेळपाक जाय. हातूंत कोंकणी लोककला, लोकनाच, लोकसंगीत आनी हेर सांस्कृतीक अभिव्यक्तिच्या प्रकारांचो शिक्षणांत आसपाक जाय.

**4.** समाजांत भाशेचो वापरः

कोंकणीच्या वेगवेगळया बोलिचें गिन्यान जावप. शिक्षण प्रसारमाध्यमां आनी कामां-धंद्यांत कोंकणीच्या वेगवेगळया बोलिंचो वापर करपाक कळपाक जाय.

**5.** संशोधनः

विद्यार्थ्यांक संशोदन करून एकठांय केल्ले म्हायतिचो संबंध कोंकणी भाशे कडेन आनी दायजा कडेन जोडपाक कळपाक जाय. ह्या मेळयिल्ल्या म्हायतिचें मुल्यांकन करून आपल्या लिखाणांत आनी सादरीकरणांत वापरपाक कळपाक जाय.

**6.** तंत्रगिन्यानाचो वापरः

विद्यार्थ्यांक तंत्रगिन्यानाचो वापर कोंकणी भास प्रभावीपणान शिक्षणांत वापरपाक कळपाक जाय. तशेंच ऑनलायन माध्यामां, भास शिकोवपी सॉफ्टवेरां आनी हेर डिजिटल माध्यमांचो वापर आपलें भाशीक कौशल्य सुदारपाक कळपाक जाय.

# MAPPING OF THE TEXTBOOK FOR KONKANI LANGUAGE

| Sr. No | Name of the Lessons | LO's | CO's |
|---|---|---|---|
| 1. | कवाथो | LO 6, LO 8, LO 23, LO 30 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 2. | यशाची चावी | LO 6, LO 8, LO 20, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 3. | पुरण शेत | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 4. | सोरोप, समज गैर समज | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 5. | स्वायन फ्लू एच 1 एन 1 | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 6. | प्लॉट | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 7. | खौली पासाचे वाटेन | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 8. | ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेतो रविंद्रबाब | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 9. | इश्टांनो, सांबाळून | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 10. | म्हजे यादिंतलो जनमत कौल | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 11. | छातीवंत चिन्नां | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 12. | जागर | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |

| Sr. No. | Name of the Poems | LO's | CO's |
|---|---|---|---|
| 1. | देवा म्हज्या देवा | LO 6, LO 8, LO 23, LO 30 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 2. | पावस | LO 6, LO 8, LO 23, LO 30 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 3. | ओळख | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 4. | उठ तरणाट्या | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 5. | तळपाचे माळयेक जलामली कनक | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 6. | खंय गेलो म्हजो गांव | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 7. | नया वर्ष | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 8. | जुजे नेणार | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |
| 9. | इश्टागत | LO 6, LO 8, LO 23 | CO 2, CO 4, CO 5 |

| Sr. No. | Name of the Grammar | LO's | CO's |
|---|---|---|---|
| 1. | वाक्प्रचार | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 2. | विकारी उतरां (नाम, सर्वनाम, विशेशण, क्रियापद) | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 3. | उरफाटीं उतरां | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 4. | वचन वळखप/ बदलप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 5. | विशेशणां करप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 6. | अविकारी उतरां | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 7. | अव्यय घालून दोन विधानां तयार करप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 8. | अव्यय काडून एक विधान करप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 9. | अव्ययांची वाक्यां तयार करप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 10. | वाक्य शुद्ध करप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 11. | हयकारी/ न्हयकारी | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 12. | लिंग वळखप/बदलप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 13. | भावनामां करप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 14. | उतरांची मांडावळ | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |
| 15. | काळ वळखप/ बदलप | LO 18, LO 23 | CO 1, CO 2 |

| Sr. No. | Name of the Composition | LO's | CO's |
|---|---|---|---|
| 1. | संवाद | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 2. | निबंद | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 28, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 3. | नोकरेचो अर्ज (job application) | LO 8, LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 4. | काणी | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 5. | उतारो (पठीत) | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 6. | अणकार | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 7. | चीट वेव्हारीक | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 8. | आपोवणें (आमंत्रण पत्रिका) | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 9. | उतारो (अपठीत) | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |
| 10. | मुलाखत | LO 18, LO 19, LO 24, LO 26, LO 29 | CO 1, CO 3, CO 4 |

# ANNUAL ACADEMIC CALENDAR OF KONKANI R1

## GRADE 9

| | माध्यमीक स्तराचें शिक्षणीक कॅलेंडर<br>वर्स 2026-2027<br>यत्ता- णव्वी  विशय- कोंकणी (R1)  पाठ्यपुस्तक - म्हादय | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | पयलें सत्र | | | | |
| **म्हयनो** | **गद्य** | **पद्य** | **व्याकरण** | **रचना** | **लेखन** |
| **एप्रील** | • कवाथो | • देवा म्हज्या देवा | • विकारी उतरां<br>• (नाम, सर्वनाम, विशेशण, क्रियापद) | • निबंद<br>• अणकार | • वर्णनात्मक, काल्पनीक, वैचारीक आनी आपजीण |
| **जून** | • यशाची चावी<br>• पुरण शेत | • पावस | • वाक्प्रचार<br>• लिंग वळखप / बदलप | • चीट वेव्हारीक<br>• संवाद | • दिल्ल्या विशयाचेर चीट बरोवप |
| **जुलाय** | • सोरोप समज गैर समज | • ओळख | • उरफाटीं उतरां<br>• वचन वळखप / बदलप | • नोकरेचो अर्ज | • दिल्ल्या विशयाचेर अर्ज बरोवप |
| **ऑगस्ट** | • स्वायन फ्लू एच 1 एन 1 | • उठ तरणाट्या | • विशेशणां करप | • काणी | • दिल्ल्या देखीचेर/ मुद्यांचेर काणी पुराय करप |
| **सप्टेंबर** | • प्लॉट | • तळपाचे माळयेक जलामली कनक | • अविकारी उतरां<br>• अव्यय घालून दोन विधानां तयार करप<br>• अव्यय काडून एक विधान करप<br>• अव्ययांची वाक्यां तयार करप | • उतारो (पठीत आनी अपठीत) | • दिल्ल्या पठीत आनी अपठीत उताऱ्याचेर प्रस्नांच्यो जापो बरोवप |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| ऑक्टोबर | | **पयली सत्र परिक्षा ( 80 गूण )** | | | |
| | • | • खौली पासाचे वाटेन | | | |
| | **दुसरें सत्र** | | | | |
| **म्हयनो** | **गद्य** | **पद्य** | **व्याकरण** | **रचना** | **लेखन** |
| **नोव्हेंबर** | • ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेतो रविंद्रबाब | • खंय गेलो म्हजो गांव | • काळ वळखप/ बदलप | • आपोवणें | • दिल्ल्या विशयाचेर आपोवणें बरोवप |
| **डिसेंबर** | • इश्टांनो, सांबाळून | • नया वर्ष | • भावनामां करप | • मुलाखत | • मुलाखती खातीर प्रस्नावळ तयार करून घेवप(10-12 प्रस्न) |
| **जानेवारी** | • म्हजे यादिंतलो जनमत कौल<br>• छातीवंत चिन्नां | • जुजे नेणार | • वाक्प्रचार | • अणकार | • दिल्ल्या उताऱ्याचो अणकार |
| **फेब्रुवारी** | • जागर | • इश्टागत | • लिंग (उजळणी) | • निबंद | • वर्णनात्मक, काल्पनीक , वैचारीक आनी आपजीण |
| **मार्च** | | **पयल्या सत्रांतल्या व्याकरणाची आनी रचनेची उजळणी + दुसरी सत्र परिक्षा ( 80 गूण )** | | | |

**सुचोवणी:** 1) परिक्षा २ सत्रांनी जातली. प्रत्येक सत्रांत 80 गूण.

2) 20 गूण भोव पर्यायी (MCQ)

3) दोनूय सत्रांत 20 गुणांची आंतरीक परिक्षा (Internal Assessment) जातली.

4) आंतरीक परिक्षे खातीर वेगळे विशय दितले.

5) **पयल्या सत्रांतल्या व्याकरणाचो आनी रचनेचो आस्पाव दुसऱ्या सत्रांतूय आसतलो.**

6) **पांचवी तें आठवी मेरेन शिकयल्ल्या व्याकरणाची(देखीक-विकारी उतरां आनी तांच्यो परी/प्रकार) उजळणी करची.**

**GOA BOARD OF SECONDARY AND HIGHER SECONDARY EDUCATION,**

**ALTO, BETIM, GOA 403501**

**SUBJECT: KONKANI R1 GRADE:9 ACADEMIC YEAR:2026-2027**

---

## INTERNAL ASSESSMENT SCHEME 2026-27

## नव्या अंतर्गत मुल्यांकन येवजणेचो आराखडो सुचोवण्योः-

1. परिक्षा दोन सत्रांनी विभागची.
2. पयल्या सत्रा खातीर एक गट आनी दुसऱ्या सत्रा खातीर एक गट.
3. दर एका गटांत तीन उपविशयांचो आस्पाव आसा.
4. दर एका गटांतलो खंयचोय एक विशय सक्तीन निवडचो.
5. दर एका विशयाक 20 गूण (20 X 2=40 ) वट्ट 40 गूण.
6. पयल्या सत्रांतले उपक्रम ऑक्टोबर आनी दुसऱ्या सत्रांतले उपक्रम जानेवारी म्हयन्याच्या दुसऱ्या सप्तकांत सक्तीन पुराय करून घेवचे.

## आंतरीक परिक्षेचे विशय (Internal Assessment)

## SEMESTER I

| पयलें सत्र - डिजिटल<br>व्हिडियो 3 - 4 मिनटांचो आसचो गूण -20 ( खंयचोय एक ) | |
|---|---|
| **क्रमांक** | **विशय** |
| 1. | गोंयच्या वेगवेगळया शेती प्रकारांची म्हायती. (खंयचोय एक प्रकार) |
| 2. | गोंयांतल्या 10 रुखांची / फळांची / फुलांची / भाजयांची म्हायती |
| 3. | मुलाखत घेवन व्हिडियो तयार करप. (गोंयच्या नांवादीक व्यक्तिची मुलाखत घेवपाची मेकळीक आसा.) |

# रुब्रीक

## डिजिटल उपक्रम: व्हिडियो

| घटक/पांवडे | वट्ट गूण | 1 | 2 | 3 | 4 | 5 |
|---|---|---|---|---|---|---|
| **विशय** | 3 | व्हिडियो विशयाक धरून ना | विशय वेवस्थित समजता विशयाचो चडसो भाग व्हिडियोन आस्पावला /दिश्टी पडटा | दिल्ल्या विशयाची सखोल म्हायती , विशयाची अचूक मांडणी | ---------------------- | ----------------- |
| **भाशा** | 5 | 15 वयर व्याकरणीक चुको/ उच्चारणांतल्यो चुको आसल्यार | 12 वयर व्याकरणीक चुको/ उच्चारणांतल्यो चुको आसल्यार | 8 वयर व्याकरणीक चुको/ उच्चारणांतल्यो चुको आसल्यार | 4 वयर व्याकरणीक चुको/ उच्चारणांतल्यो चुको आसल्यार | व्याकरणीक नदरेन शुध्द आनी स्पश्ट भास आसल्यार |
| **तंत्राचो वापर** | 5 | चित्रीकरणांत कांयच विविधताय ना आनी तंत्रांचो मातूय उपेग ना जाल्यार | चित्रीकरणांत तंत्रांचो खूब उणो वापर केला जाल्यार | तंत्रांचो मर्यादीत वापर केला, पूण व्हिडियोची गती आनी संपादन योग्य आसल्यार | चित्रीकरणांत तंत्रांचो वापर केला पूण चड विविधताय नासल्यार | संगिताचो, ॲनिमेशन, संपादन तंत्रांचो वापर करून आकर्शक व्हिडियो आसल्यार |

| | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|
| **मूल्य/निती** | **3** | मुल्यांचो  आस्पाव ना | मुल्यांचो थोड्या प्रमाणांत आस्पाव आसा, मुल्यां धरून संदेश दिला | मुल्यां धरून व्हिडियो सादरीकरण<br>व्हिडियोन मुल्यांचेर बरो संदेश दिवप/ व्हिडियोन मुल्यां दिसप | --------------------- | ------------------ |
| **सादरीकरण** | **4** | सादरीकरणांत स्पश्टता ना. मातूय प्रभावी ना | एकदम सादें सादरीकरण | सादरीकरण बरें आसा पूण तातूंत ओग उणो आसा | सादरीकरण प्रभावी आसा. हावभाव, आत्मविस्वास आनी विशयाची मांडणी आकर्शक आसा | ------------------ |
| | **20** | | | | | |

# SEMESTER II

| दुसरें सत्र – सादरीकरण<br>गूण -20 (खंयचोय एक) | |
|---|---|
| **क्रमांक** | **विशय** |
| 1. | एकांकिका सादरीकरण (5 -7  मिनटां) |
| 2. | रस्तो नाट्य (5-7 मिनटां) |
| 3. | एकपात्री सादरीकरण  (3 - 4 मिनटां) |

# रुब्रीक

## सादरीकरण

| घटक/पांवडे | गूण | 1 | 2 | 3 | 4 | 5 |
|---|---|---|---|---|---|---|
| **कथानक/विशय** | **5** | कथानक सादारण आसलें जाल्यार | बरेतरेन मांडिल्ले कथानक वा विशय | कथानक प्रभावी आनी ओडलायणो आसा पूण मुल्यां कमी आसात आनी कमी नाविन्य ना | कथानकांत/विशयान देख आनी नैतीक मुल्यांचो आस्पाव नाविन्य आसल्यार | मुल्यांचो आस्पाव, कल्पक, नाविन्य, अर्थपूर्ण आनी खोल परिणाम करपी आसल्यार |

| | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|
| **अभिनय** | **5** | सादारण अभिनय आसल्यार | विशयाक सोबसारको अभिनय आसल्यार | दर्जेदार अभिनय आसल्यार | ओडलायणो , प्रभावी अभिनय आसल्यार | उत्कृश्ट अभिनय आसल्यार |
| **संवाद** | **5** | अस्पश्ट उच्चारण/भास , आवाजांत चड-उतार नासल्यार | स्पश्ट उच्चारण/भास, आवाजांत मातूय चड-उतार नासल्यार | स्पश्ट उच्चारण/भास आनी आवाजांत चड-उतार उणो आसल्यार | आवाजांत आनी भाशेंत स्पश्टताय, आवाजांत चड-उतार बऱ्या प्रमाणांत दिश्टी पडल्यार | आवाजांतली स्पश्टताय,चड-उतार, शुद्ध उच्चारण आनी संवादाची पद्धत चड प्रभावी आसल्यार |
| **सादरीकरण** | **5** | सादरीकरणांत कमी खाशेलपण आनी कमी प्रभाव आसल्यार | सादरीकरण बरें आसल्यार | दर्जेदार सादरीकरण पूण संगीत वा प्रॉप्सांचो उपेग नासल्यार | संगीत वा प्रॉप्सांचो उपेग करून प्रभावी सादरीकरण आसल्यार | संगीत वा प्रॉप्सांचो उपेग करून उत्कृश्ट सादरीकरण आसल्यार |
| | **20** | | | | | |

# BLUEPRINT OF KONKANI R1 QUESTION PAPER SEMESTER I EXAMINATION - 2026-2027

**BLUEPRINT (INDIAN LANGUAGE)** **GRADE:9** **MAX. MKS: 80**
**SUBJECT: R1 KONKANI** **TIME: 3 HRS**
**UNIT/PAPER**

| | OBJECTIVES → | ELEMENTS OF LANGUAGE KNOWLEDGE ज्ञान | | | | | COMPREHENSION UNDERSTANDING आकलन | | | | | EXPRESSION APPLICATION उपयोजन | | | | | APPRECIATION SKILLS अभिव्यक्ती | | | | TOTAL row wise |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| CONTENT AREA | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | |
| **गद्य** | | | | | 4(4) | | 4(2) | 8(10) | | 4(4) | | 4(2) | | | | | | | | | **24** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **पद्य** | | | 2(2) | 1(2) | 2(2) | | | 4(2) | 1(1) | 2(2) | | | | | | | | | | | **12** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **व्याकरण** | | | | | | | | 4(6) | | 8(8) | | | | 4(6) | | | | | | | **16** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **रचना** | | | | | | | | | | | | | 7(6) | | | | | 21(5) | | | **28** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **SUB TOTAL** | | | **2** | **1** | **6** | | **4** | **16** | **1** | **14** | | **4** | **7** | **4** | | | | **21** | | | **80** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| TOTAL → COLUMN WISE | **09 MARKS TOTAL** | | | | | **35 MARKS TOTAL** | | | | | | **15 MARKS TOTAL** | | | | | **21 MARKS TOTAL** | | | | **80** |

NOTE: Figures within brackets to indicate the number of questios and figures outside the brackets to indicate marks.
Denotes that the marks have been combine to form one question.

**SUMMARY:** **Essay(E)** No . _____ marks:__ **29** pattern of option:__________
**Short answer (S.A):** No. _____ marks:__ **25**
**Very short answer (V.S.A):** No. _____ marks:__ **06** scheme of sections: _______________
**Objective:** No. _____ marks:__ **20**

**TOTAL NO. OF QUESTIONS= 6**
**TOTAL MARKS= 80**

**MODEL QUESTION PAPER- SEMESTER I**

**SUBJECT: KONKANI R1 GRADE:9 MARKS:80**

**ACADEMIC YEAR:2026-27 TIME:3 HOURS**

---

**सुचवण्यो: (i) प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.**

**(ii) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे वट्ट गूण धरचे.**

---

**दर विधानां सकयल चार पर्याय दिल्यांत. तातूंतलो योग्य पर्याय वेंचून बरयात.**

**1. पुरणशेती पळयतलो जाल्यार आमकां ______________________________ (1)**

- जुवारी न्हंयच्या वाठाराची भोंवडी करची पडटली.
- गालजीबाग न्हंयच्या वाठाराची भोंवडी करची पडटली.
- म्हादय न्हंयच्या वाठाराची भोंवडी करची पडटली.
- तेरेखोल न्हंयच्या वाठाराची भोंवडी करची पडटली.

**2. तिणें बाबडेन आपलें सगळें भांगर-शिंगर विकून ______________________ (1)**

- दुबय वचपा खातीर पयशे उबे केल्ले.
- प्लॉटाखातीर पयशे उबे केल्ले.
- भाटाखातीर पयशे उबे केल्ले.
- वस्ती करपाखातीर पयशे उबे केल्ले.

**3. एखादी कल्पना आपणायतकच तिकाच जिणेचो _____________________ (1)**

- हावेस मानूंक जाय.
- आदार मानूंक जाय.
- सांगात मानूंक जाय.
- संकल्प मानूंक जाय.

**4. "देवादयेन आमकां पयशांचो कांयच उणाव ना."** **(1)**

- हें वाक्य सुरेखान विवेकाक म्हणलें.
- हें वाक्य विवेकान सुरेखाक म्हणलें.
- हें वाक्य विवेकान स्वताक म्हणलें.
- हें वाक्य विवेकान रघुक म्हणलें.

**5. "फाल्यां तो मनीस भायरच सरना जाल्यार."** **(1)**

- हें वाक्य बरोवप्यान पुट्टप्पाक म्हणलें.
- हें वाक्य बरोवप्याच्या घरकान्नीन बरोवप्याक म्हणलें.
- हें वाक्य बरोवप्यान पुट्टप्पाचे बायलेक म्हणलें.
- हें वाक्य पुट्टप्पाचे बायलेन बरोवप्याच्या बायलेक म्हणलें.

**6. "ते सोरोप वर्तुळांतच शिरकून उरतले."** **(1)**

- हें वाक्य इंगवलेन जमिल्ल्या लोकांक म्हणलें.
- हें वाक्य मांत्रिकान लोकांक म्हणलें.
- हें वाक्य मांत्रिकान इंगवलेक म्हणलें.
- हें वाक्य बाबान मांत्रिकाक म्हणलें.

**7. पुरण पोटराक येतकच तिका कोणा पसून राखची पडटा?** **(1)**

- पुरण पोटराक येतकच तिका मनशां पसून राखची पडटा.
- पुरण पोटराक येतकच तिका गोरवां आनी सावदां पसून राखची पडटा.
- पुरण पोटराक येतकच तिका लाकडां आनी बडयां पसून राखची पडटा.
- पुरण पोटराक येतकच तिका हुंवारा पसून राखची पडटा.

**8. स्वामी विवेकानंद जैताचो उजवाड कोणाक मेळटा अशें म्हणटात ? (1)**

- स्वामी विवेकानंद जो एकूच कल्पना घेवन तिका दसून रावता ताकाच जैताचो उजवाड मेळटा अशें म्हणटा.
- स्वामी विवेकानंद जो एकूच कल्पना घेवन तिका दसून बसना ताकाच जैताचो उजवाड मेळटा अशें म्हणटा.
- स्वामी विवेकानंद जो कल्पनेच्या मोगांत पडटा ताकाच जैताचो उजवाड मेळटा अशें म्हणटा.
- स्वामी विवेकानंद जो आपलेभितरच रिगून चिंतनशील जाता ताकाच जैताचो उजवाड मेळटा अशें म्हणटा.

**9. हें सगळें जें सोबीत सुंदर, ही तुजीच माया रे. हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात. (1)**

- सरभोंवतणचो सोबीत सैम हाचो रचणार तूंच.
- सरभोंवतणचो सैम तुवें मायेन रचला.
- सरभोंवतणी जें आसा तें सोबीत आसा.
- सरभोंवतणचो सैम मायेंन भल्ला.

11. **तुगेले देवाक तूं उळदिता,मेगेले देवाक हांव उळदितां. हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात. (1)**

- कवी आनी वांगडी एकाच देवळान वताले.
- कवी आनी वांगडी एकाच देवाक पुजताले.
- कवी आपल्या देवाक भजता आनी ताचो वांगडी आपल्या देवाक भजता.
- कवी आपल्या देवाक वळखता आनी ताचो वांगडी आपल्या देवाक वळखता.

**11. अनवळखी मनशाक लेगीत आपणालो ________ दाखयता. (1)**

- राग
- शीण
- दुस्वास

- मोग

**12. सोन्याच्या सुरोंनी ______ कातरिला बा.** **(1)**

- शेंडा
- गोंडा
- दांडा
- तळपा

**13. गिरेस्त' ह्या उतराचें उरफाट्या अर्थाचें उतर वळखून बरयात.** **(1)**

- अमिर
- गरीब
- श्रीमंत
- भिकारी

**14. 'दुस्मान' ह्या उतराचें उरफाट्या अर्थाचें उतर वळखून बरयात.** **(1)**

- सोयरो
- शेजारी
- इश्ट
- सांगाती

**15. 'थंडाय' ह्या उतराचें विशेशण वळखून बरयात.** **(1)**

- थंड
- थंडसाण
- थंडी
- थंडगार

**16. ‘गोडसाण’ ह्या उतराचें विशेशण वळखून बरयात.** **(1)**

- कोडसाण
- कोडू
- गोड
- गोडाचें

**17. ‘रस्तो’ ह्या उतराचें भोववचन रूप वळखून बरयात.** **(1)**

- मार्ग
- रस्ते
- रस्तो
- वाट

**18. म्हाका भोंवपाक आवडटा. आडी मारिल्ल्या उतराची जात वळखून बरयात.** **(1)**

- नाम
- सर्वनाम
- विशेशण
- क्रियापद

**19. आमच्या शेजरा अपुरबायेचो भुरगो आसा. विशेशण वळखून बरयात.** **(1)**

- शेजरा
- भुरगो
- आमच्या
- अपुरबायेचो

**20. नुस्त्याची गांथन ताजी आसली. आडी मारिल्ल्या नामाची परी वळखून बरयात.** **(1)**

- जातनाम
- खासनाम
- रासनाम
- भावनाम

**सकयल दिल्लो उतारो पाठाचेर आदारीत आसा. उतारो वाचून सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** **(4)**

स्वायन फ्लू चो संसर्ग जाल्लो मनीस सर्वसामान्यपणान थंडेचे दुयेंस जाल्ले भशेनच लक्षणा दाखयता.सूरवेक सुमार १०० ते १०४ डिग्री सेल्सीयस जोर आंगांत भरता, खोंकली येता,ताळो दुखूंक लागता, नाक व्हांवता वा नाक चोंदता. खूब थकिल्लेवरी जाता.विशाणू आंगात रिगतकच ताची वाड जाता.पुराय लागण जावन लक्षणां दिसपाक एक ते चार दीस लागतात. एकदां ही लागण जावन मनीस बरो जातकच सुमार १ ते २ वर्सां मेरेन ताका परतून लागण जायना.हें दुयेंस जाल्लो मनीस खुबशे फावटी सात दिसांभितर बरो जाता.

**प्रस्न:**

**21**. स्वायन फ्लू चो संसर्ग जाल्लो मनीस कसलीं लक्षणा दाखयता?

**22**. स्वायन फ्लूची वाड केन्ना जाता?

**23**. लागण जावन लक्षणां दिसपाक कितले दीस लागतात?

**24**. हें दुयेंस जाल्लो मनीस कितल्या दिसांनी बरो जाता?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्नांच्यो जापो 8-10 उतरांनी बरयात.** **(4)**

**25**. पुंगी वाजयतना सोरोप फणो काडून कित्याक धोलता?

**26**. सावजाक भुजोवपाक शेतकार कितें करतात?

**27**. बालकनींत उबो राविल्ले कडेन विवेकान कितें पळयलें?

28. बरोवप्याक शेळो घाम केन्ना सुटलो?

29. स्वायन फ्लूचें तकटे विमानतळार कित्याक लायिल्ले?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40-45 उतरांनी बरयात. (8)**

30. सुरेखाची झाडांविशींची आपुलकाय कशी दिसून येता?

31. एकाग्रता हाडूंक कितं करूंक जाय?

32. सोरपा संबंदान मनशाच्या मनांत कसले गैरसमज आसात?

33. बरोवप्यान पुट्टप्पाक कसल्यो सुचोवण्यो केल्यो ?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो 8-10 उतरांनी बरयात. (2)**

34. दिका-दिकांनी कसतो नाद भरला?

35. कवीच्या भुरगेपणांत एकवट कशे तरेन दिसून येतालो?

36. दर एकल्याक पावसा विशीं कितें दिसता?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 20-25 उतरांनी बरयात. (6)**

37. देवाची माया आमकां कशे तरेन पळोवपाक मेळटा ?

38. कवी रमेश लाड तरणाट्यांक कितें करूंक सांगता ?

39. कवीन शंबर वर्सां पयलीं आनी आयज हातूंत कितें फरक दाखयला?

40. 'पावस' कवितेंत मनशाचो सुवार्थ कसो दिसून आयला?

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उत्तरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्लो फावो तो वाक्प्रचार वेंचून विधान परत बरयात. (2)**

**(भिरभिरी मारप, खिळून रावप, हातां-पांयांक गुळे येवप, धारेर घरप)**

41. शेजाऱ्यान सांगिल्ली खबर आयकून दया एकाच जाग्यार रावलो.

**42**. न्हंयचेर गेल्लो पूत कडकडत येता तें पळोवन आवय सामकी भियेली.

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार वाक्यांत कंवसांत दिल्ल्या सुचोवणे प्रमाण बदल करून बरयात. (4)**

**43**. झाडावेल्यान उडी मारतकच ताचो पांय म्होडलो. (अव्यय घालून दोन विधानां करात.)

**44**. वर्गांत भुरगीं मोठ्यान हांसताली. (अव्यय वळखून तरा बरयात.)

**45**. मांजर दारार बसला. (लिंग बदलून वाक्य परत बरयात.)

**46**. राजेशाक सायकल चलोवंक आवडटा. (वचन बदलून वाक्य परत बरयात.)

**47**. शिक्षकान समजायलो म्हण ताणें चूक मागली. (अव्यय काडून एक विधान करात.)

**सकयल दिल्लीं खंयचीय दोन अव्ययां वापरून दरेकी एक-एक वाक्य घडोवन बरयात. (2)**

**48**. पूण

**49**. वांगडा

**50**. आवयस !

**सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (5)**

पैंगीण ही देवदेवतांची आनी परंपरागत उत्सवांची भूंय. हांगा परशुरामाचें सोबीत बरें देखणें मंदीर आसा. पर्तगाळचो जिवोत्रम मठ म्हणल्यार भारतभरच्या साबार भाविकांचे श्रध्दास्थान. बेताळाच्या देवळाकडेन दर तीन वर्सांनी घडून येवपी गड्यांची जात्रा हें गोंयकारां खातीर खास आकर्शण. गालजीबागच्या सांत आंतोनीची आनी सादोळशेंच्या रोजार सायबिणीच्यो इगर्जी म्हणल्यार आमच्या क्रिस्तांव भावांची प्रार्थना थळां. हांगा विंगड धर्माचे लोक एकचारान रावतात आनी एकामेकांच्या उत्सवांत उमेदीन वांटेकार जातात. सादोळशेंचे मोहिनी मंदीर, म्हालवाडेचें नवदुर्गचें मंदीर, तळपणचे गणपतीचे मंदीर हांगाच्या भक्तिमय वातावरणाक पोसवण दितात.

**प्रस्न:**

**51**. भारतभरच्या भाविकांचे श्रध्दास्थान खंयचें?

**52**. पैंगीण ही कसली भूंय?

**53**. पैंगीणची गड्यांची जात्रा कितल्या वर्सांनी जाता?

**54**. क्रिस्तांव भावांची प्रार्थनां थळां खंयचीं?

**55**. तळपणा कसलें मंदीर आसा?

**56. सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणींत अणकार करात. (2)**

English is a language that contains words from many other languages. But it is an universal language.

**57. सकयत दिल्ल्या मुद्यांच्या आदारान फावो तें नांव दिवन काणी बरयात. (5)**

एक गरीब शेतकार --- कश्ट करून दोगूय भुरग्यांक व्हड करप --- व्हडल्या पुतान मोबायला खातीर हट्ट धरप --- आवयन एकठांय केल्ल्या पैशांचो मोबायल घेवप --- पुताक खूब खोस जावप --- दीस-रात पुतान मोबायलाचेर खेळ खेळप---अभ्यासा कडेन दुर्लक्ष जावप --- वर्स फुकट वचप --- धाकल्या पुतान भावाक शिकपाक आदार करप---त्याच मोबायलाचेर अभ्यास कसो करूं येता तें शिकोवप --- व्हडल्या पुताक आपली चूक कळप ---अभ्यास करून पास जावप --- देख.

**58. सकयल दिल्ली जायरात वाचून रोहन / रूपाली गांवकार, घर. क्र. ३२०, गांवडोंगरी, काणकोण-गोंय सावन सकयल दिल्ल्या पदा खातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज बरयात. (5)**

**गरज आसा**

**शारिरीक शिक्षक (Physical Education Teacher)**

**शिक्षणीक पात्रताय :-** शारिरीक शिक्षणांतली पदवी
- कोंकणी भाशेचें गिन्यान

**अणभव :** उण्यांत उणें एक वर्स

**पुराय म्हायती सयत अर्ज करात**

**संपर्क :** वेवस्थापक, स्वामी विवेकानंद उच्च माध्यमीक विद्यालय, धारबांदोडा-गोंय

**वा**

**59. तूं अमन / अमिना शेख, रावता एस-1 वयलो वाडो, नावेली, साश्ट. हया नाम्यार सावन रस्त्याकुशीच्या लायटी खांब्यावेल्यो पेटनाशिल्ल्यो त्यो लायटी घातल्यो म्हूण उपकार मानपी चीट नगराध्यक्षांक बरय. (5)**

**60. पावसा दिसांनी जळारां जावूंक जायना म्हूण कितें उपाय घेवचो हाचेर दोग इश्ट भासाभास करतात. तांचेमदीं जाल्लो संवाद 7-8 वळींनी बरयात. (4)**

**वा**

**61. तुमच्या वाठारांतल्या दोतोराच्या मुलाखती खातीर 4 प्रस्न तयार करात. (4)**

**सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> विशयाचेर 150-200 उतरांनी निबंद बरयात. (7)**

**62**. गोंयच्यो जात्रा वा गोंयचीं फेस्तां

**63**. रंगीत सत्रेची आपजीण

**64.** वाचनाची आवड

**65**. खेळामळार एक वर

**-------------------------------------THE END-------------------------------------**

# BLUEPRINT OF KONKANI R1 QUESTION PAPER SEMESTER II EXAMINATION - 2026-2027

**BLUEPRINT (INDIAN LANGUAGE)** **GRADE:9** **MAX. MKS: 80**
**SUBJECT: R1 KONKANI** **TIME: 3 HRS**
**UNIT/PAPER**

| | OBJECTIVES → | ELEMENTS OF LANGUAGE KNOWLEDGE ज्ञान | | | | | COMPREHENSION UNDERSTANDING आकलन | | | | | EXPRESSION APPLICATION उपयोजन | | | | | APPRECIATION SKILLS अभिव्यक्ती | | | | TOTAL row wise |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| CONTENT AREA | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | | दीर्घो E | ल S.A | अ. ल. V.S.A | O | |
| **गद्य** | | | | | 4(4) | | 4(2) | 8(10) | | 4(4) | | 4(2) | | | | | | | | | **24** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **पद्य** | | | 2(2) | 1(2) | 2(2) | | | 4(2) | 1(1) | 2(2) | | | | | | | | | | | **12** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **व्याकरण** | | | | | | | | 4(6) | | 8(8) | | | | 4(6) | | | | | | | **16** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **रचना** | | | | | | | | | | | | | 7(6) | | | | | 21(5) | | | **28** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| **SUB TOTAL** | | | **2** | **1** | **6** | | **4** | **16** | **1** | **14** | | **4** | **7** | **4** | | | | **21** | | | **80** |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| TOTAL → COLUMN WISE | **09 MARKS TOTAL** | | | | | | **35 MARKS TOTAL** | | | | | **15 MARKS TOTAL** | | | | | **21 MARKS TOTAL** | | | | **80** |

NOTE: Figures within brackets to indicate the number of questios and figures outside the brackets to indicate marks.
Denotes that the marks have been combine to form one question.

**SUMMARY:** **Essay(E)** No . _____ marks:__ **29** pattern of option:__________
**Short answer (S.A):** No. _____ marks:__ **25**
**Very short answer (V.S.A):** No. _____ marks:__ **06** scheme of sections: _______________
**Objective:** No. _____ marks:__ **20**

**TOTAL NO. OF QUESTIONS= 64**
**TOTAL MARKS= 80**

**MODEL QUESTION PAPER- SEMESTER II**

**SUBJECT: KONKANI R1** **GRADE:9** **MARKS:80**

**ACADEMIC YEAR:2026-27** **TIME:3 HOURS**

---

**सुचवण्यो: (i) प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.**

**(ii) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे वट्ट गूण धरचे.**

---

**दर विधानां सकयल चार पर्याय दिल्यांत. तातूंतलो योग्य पर्याय वेंचून बरयात.**

**1. भुरग्यांक ल्हान पिरायेचेर गाडी हातांत दितकच ........................... 1**

- तो केन्ना लायसन मेळयता तेंच कळना.
- तो केन्ना हाताभायर वता तेंच कळना.
- तो केन्ना गाडी शिकता तेंच कळना.
- तो केन्ना येरादारीचे नेम शिकता तेंच कळना.

**2. रामण्णालो गाडये बैल गाडी ओडून ओडून आनी ............................... 1**

- तण खावन – खावन  मदानमस्त जाल्लो.
- खावड खावन – खावन  घटमूट जाल्लो.
- सरकी – पेंड खावन – खावन पकदस्त जाल्लो.
- चरोव खावन – खावन  बळिश्ट जाल्लो.

**3. रवीन्द्रबाबान कोंकणी भाशेक मानाची सुवात मेळोवन दिवपाक................ 1**

- साबार सर्तींनी वांटो घेतलो.
- स्वतंत्रताये झुजांत वांटो घेतलो.

- दर एका वेंचणूकांनीं वांटो घेतलो.
- वेगवेगळ्या चळवळींनीं वांटो घेतलो.

**4. “ तूं रडूं नाका. तुजो पूत रोखडोच बरो जातलो. ”** **1**

- शिवानंद सरान चिन्नास्वामीचे आवयक म्हणलें.
- लोकांनी शिवानंद सराक म्हणलें.
- चिन्नास्वामीन रामण्णाक म्हणलें.
- आदमखानान चिन्नास्वामीचे आवयक म्हणलें.

**5. “तूं म्हणटालो न्ही,आमी हॅल्मेटाचेर स्टिकर लावया म्हूण !”** **1**

- कल्पनान मॅल्वीनाक म्हणलें.
- किशोरान प्रकाशाक म्हणलें.
- अनिकेतान अल्ताफाक म्हणलें.
- सरान सगळ्यांक म्हणलें.

**6. “वायट सोडून बरी जीण जगची म्हूण सगळ्यांक उलो मारतात. ”** **1**

- फिलोमेनान भुरग्यांक म्हणलें.
- प्रियान लिंडाक म्हणलें.
- सलीमान फिलोमेनाक म्हणलें.
- जेसनान प्रियाक म्हणलें.

**7. रवीन्द्रबाबान दिल्ली ग्रंथपाल म्हूण काम केले उपरांत मुंबय येवन कितें केलें?** **1**

- लायसीयम हायस्कूलांत शिक्षण घेतलें.

- गांधी स्मारक संग्रहालयांत ग्रंथपाल म्हूण काम केलें.
- गोमंत भारतीय संस्था सुरू केली.
- डॉ. राम मनोहर लोहिया वांगडा चळवळ सुरू केली.

**8. सिमा दलाचे जवान तंबूंनी रावन कितें करताले ?** **1**

- दुस्मानांचेर फारपेट करताले.
- बर्फापासून स्वताची राखण करताले.
- दुस्मानाचेर हल्लो करपाची वाट पळयताले.
- दोळयांचेर दुर्बीण लावन वाठाराचेरे नदर दवरून आशिल्ले.

**9. 'एका माडार तीन नाल्ल हिशोब लायतां लायतां जुजे ओंठार फुल्लो हांसो'- हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात.** **1**

- एका माडाक तीन नाल्लांच्यो राशी म्हूण जुजे खोशी जाता.
- एका माडाक तीन तीन नाल्ल दिसता तेन्ना जुजेज उमेद जाता.
- एका माडाक तीनशें नाल्ल पळोवन जुजे प्रसन्न जाता.
- एका माडाक तीन नाल्ल मेळटले हाचो मनांत हिशोब करीत जुजे खुशाल जाता.

**10. 'बराच काय करूचा होता तसाच रवान गेला'. हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात.** **1**

- वर्सभर खूबशें साध्य करपाचें तशेंच उरता.
- वर्सभराचें सगळें काम पुराय करता.
- वर्सभर रावन – रावन फक्त बडबड करता.
- वर्सभर सगळें सोपोवन तसोच रावता.

**11. इश्टागत बसना खंयचेच ................ ती आसता मुक्त.** **1**

- नदरेंत
- फास्केंत
- पेटयेंत
- मुठयेंत

**12. म्हजो गांव गांवचे म्हजे लोक खंय ...........** **1**

- लिपले
- धांवले
- शेणले
- रावले

**13. ‘जैतिवंत ’ ह्या उतराचें भावनाम वळखून बरयात.** **1**

- जैत
- जैतताय
- जैतपण
- जैती

**14. ‘ म्हारग ’ ह्या उतराचें भावनाम वळखून बरयात.** **1**

- म्हारगी
- म्हारगपण
- म्हारगताय
- म्हारगाय

**15. भविश्य काळांतलें वाक्य वळखून बरयात.** **1**

- हांवें पर्यावरणाची राखण केली.
- हांवें पर्यावरणाची राखण केल्ली.
- हांव पर्यावरणाची राखण करतलें.
- हांव पर्यावरणाची राखण करतां.

**16. 'कामेरें ' ह्या उतराचें पुरुशलिंगी रूप वळखून बरयात.** **1**

- धनी
- मानांय
- किरयाद
- शेजारी

**17. ' शितळ ' ह्या उतराचें उरफाटें उत्तर वळखून बरयात.** **1**

- थंड
- गरम
- उग्र
- शांति

**18. ' मूळ ' ह्या उतराचें उरफाटें उतर वळखून बरयात.** **1**

- जमीन
- मळब
- तेंगशी
- कंदमूळ

**19. ‘आमची वागणूक हिंसक आसूंक फावना. ’ ह्या वाक्याचें हयकारी रूप वळखून बरयात.** **1**

- आमची वागणूक हिंसक आसता.
- आमची वागणूक हिंसक नासची.
- आमची वागणूक अहिंसक आसूंक फावना.
- आमची वागणूक अहिंसक आसूंक जाय.

**20. ‘ स्वाभिमान ’ ह्या उतराचें विशेशण वळखून बरयात.** **1**

- स्वाभिमानी
- स्वाभिमाता
- स्वाभिमानताय
- स्वाभिमानव

**सकयल दिल्लो उतारो पाठाचेर आदारीत आसा. तो वाचून सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** **4**

दुसरे दिसा बरोवपी आनी ताच्या वांगड्यांक सकाळीं चार वरांचेरूच उठोवन घाले. शिंयान आमची दांतखिळी वाजताली. तंबूच्या भायर येवन आमी उबे रावले.काळखांत एका फुटावेलें लेगीत कांय दिश्टी पडनाशिल्लें. बॅटरे दिव्यांच्या उजवाडांत सगळीं कामां झपाझप केलीं. गरम गरम पुरयो आनी च्या घेवन सगळे तयार जाले. कँप लिडरान आमकां डबे भरून दिले आनी बॅटरे दिव्यांच्या उजवाडांत साडेचारांक आमी कँप लिडराक आनी पाद्री कँपाक गुडबाय करून खौली पासाचे वाटेक लागले.एकामेकाच्या फाटोफाट जमनीर नदर लावन दर एकलो चलतालो.वत पडचे पयलीं रस्ते हुंपचेखातीर सपसपीत पावलां उबारपाक सुरवात केली. दोन तीन किलोमिटर त्या बर्फातल्यान चल्लया मात, अकस्मात पावसाक सुरवात जाली. हॅवरसॅकांतल्यान रेनकोट काडून आंगार चडयता म्हणसर पावस दाट जालो. पावस आनी ताच्या सांगाताक पडपी करे सोंसूंक

जायनाशिल्ले. डीप फ्रिजांतल्यान उदकाची बाटली काडून माथ्यार ओतप हजार वांट्यांनी बरें आसलें. इतलो वेळ चलून चलून आंगाक आयिल्ली गरमीय थंड किरांव उदकान नाच्च जाली. आमचे हॅवरसॅक पुराय भिजून गेले.

**प्रस्न:**

**21.** बरोवप्याची दांतखिळी कित्याक वाजताली ?

**22.** सगळे दोन तीन किलोमीटर चल्ल्या उपरांत कितें जालें ?

**23.** दर एकलो कसो चलतालो ?

**24.** कितें सोसूंक जायनाशिल्लें ?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्तांच्या जापो 8-10 उतरांनी बरयात.** **4**

**25.** जागरा मांडार शेकोटी कित्याक घालतात ?

**26.** शिवानंद सराक चिन्नास्वामीच्या खंयच्या गुणाचो अभिमान दिसता ?

**27.** 'जय गोमंतक' नांवाच्या कलापथकाचो लोकांच्या मनाचेर कसो परिणाम जालो?

**28.** आयज कालच्या शिकपी तरणाट्यांक कसली लज दिसता अशें बरोवपी म्हणटा?

**29.** नक्षत्रविद्येचो अभ्यास करून रवीन्द्रबाबान कितें केलें ?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्तांच्यो जापो 40-45 उतरांनी बरयात.** **8**

**30.** बरोवपी राजय पवार हॅल्मेटाविशीं कितें सांगता ?

**31.** रवीन्द्रबाबांची भाशाशैली कशी आशिल्ली ?

**32.** भारत सरकाराक गोंयचे खातीर जनमत कौल कित्याक घेवचो पडलो ?

**33.** शिवानंद सरान चिन्नास्वामीच्या घरच्यांचेर कसलो उपकार केल्लो ?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो 8-10 उतरांनी बरयात.** **2**

**34.** आपले पिळगे कडेन इश्टागत कित्याक करची ?

**35.** गांवांत जळींमळीं कितें धोलताल्यो ?

**36.** कवी वर्सभर कितें म्हणत रावलो ?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन प्रस्तांच्यो जापो 20-25 उतरांनी बरयात.** **6**

**37.** कवी भुरगेपणातल्यो कसल्यो यादी सांगता ?

**38.** “ इश्टागत करची आपल्या आज्याकडेन ” हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात.

**39.** ‘ नया वर्ष ’ हे कवितेंत कवी कसले विचार मांडटा ?

**40.** “ मनीस म्हणल्यार मनीस पूण माडार ताचे माकड चाळे ” हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात.

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारील्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्लो फावो तो वाक्प्रचार बरोवन वाक्य पुराय करात.** **2**

**( प्रेरणा घेवप , हातभार लावप , नेट देंवप , दाना दिस्पट करप )**

**41.** मनशान स्वताच्या स्वार्था खातीर पर्यावरणाचो विध्वंस केला.

**42.** भारताक संवसारांतलें आदर्श राष्ट्र करपाक सगळे भारतीय एकवटान आदार करतात.

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार वाक्यांचो कंवसांत दिल्ले सुचोवण प्रमाण बदल करात.** **4**

**43.** खेळ सोंपलो तशे सगळे भुरगे घरा गेले.(वाक्य भाविश्य काळांत बरयात )

**44.** आमच्या जागरांत पूर्वझांचें दायज आनी गोंयचे माथयेचो गंध आसा.(वाक्य शुद्ध करात)

**45.** मारून बांयत ताणे भुरग्याक सरळ वांचयलो उडी.(उतरांची फावो तशी मांडणी करात )

**46.** भारत स्वतंत्र जाले उपरांत देशाचो कारभार लोकशाय पद्धतीन चलूंक लागलो.(अव्यय काडून एक वाक्य करात )

**47.** तो सदांच घडयाळ उजव्या हाताक घालता.(अर्थ बदलिनासतना वाक्य न्हयकारी करात)

**सकयल दिल्लीं खंयचीय दोन अव्ययां वापरून दरेकी एक वाकय घडयात.** **2**

**48.** एकदम

**49.** खाला

**50.** आंवय !

**सकयल दिल्लो उतारो वाचून दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** **5**

पर्यावरण म्हळ्यार आमच्या भोंवतणचें सैमीक जग, तातूंत वारें, उदक, जमीन, वनस्पत, जनावरां हांचो आस्पाव जाता. तातूंतल्यान आमकां जियेवंक जाय तें सगळें मेळटा. पूण रानां कापप, प्रदुशण करप, सैमीक संपत्तीचो चड वापर अशा मनशाच्या वावराक लागून पर्यावरणाचें मोठें लुकसाण जालां.हें लुकसाण चालूच उरलें जाल्यार फुडले पिळगेक भलायकेन भरिल्लें जिवीत जगप कठीण जातलें.पर्यावरणाक प्रदुशण हो एक व्हड धोको.वायु प्रदुशणाक लागून आमचे भलायकेचेर परिणाम जाता आनी स्वास घेवपाचे दुयेंस जातात, जाल्यार उदकाच्या प्रदुशणाक लागून उदकांतल्या जिवांक हानी जाता आनी उदक पिवपाक असुरक्षित जाता. प्लास्टीक कोयर सोंपेंपणान कुसना आनी जमनी आनी दर्या प्रदुशीत करता देखून तो एक ज्वलंत प्रस्न जाला. उद्देगधंदे आनी शार उदरगतीखातीर झाडां कापल्यार रानांचो आंवाठ उणो जाल्ल्यान हवामानांत बदल जावन रानटी जनावरांचें लुकसाण जालां.पर्यावरण सांबाळप ही दरेक व्यक्तीची जापसालदारकी. झाडां लावप, उदक सांबाळप, भौशीक येरादारी वापरप, कोयर उणो करप सारकिल्ल्यो साद्यो कृती व्हड फरक करपाक शकतात.नागरिकांनी एकठांय येवन पर्यावरणाची राखण केली जाल्यारच धर्तरी सगळ्या जिवांक सुरक्षीत सुवात उरतली.

**प्रस्न :-**

**51.** फुडले पिळगेक भलायकेन भरिल्लें जिवीत जगप कित्याक कठीण जातलें ?

**52.** उदकाच्या प्रदुशणाक लागून कितें जाता?

**53.** रानटी जनावरांचें लुकसाण कित्याक लागून जावपाक लागलां ?

**54.** धर्तरी सुरक्षीत दवरपाक आमी कितें करपाक जाय?

**55.** ह्या उताऱ्यांत खंयचो ज्वलंत प्रस्न मांडला?

**56. तुमच्या 'एकात्मता उच्च माध्यमीक विद्यालयांत' घडोवन हाडिल्ल्या 'अस्मिताय दिसाचे ' कार्यावळीचें आपोवणें तयार करात.** **5**

**57. सकयल दिल्लो उतारो वाचून कोंकणींत अणकार करात.** **2**

Success never comes overnight. Behind every goal, there are Countless hours of practice, struggle and determination.

**58. " गरमेच्या दिसांनी उदकाचो वापर आनी जतनाय " ह्या विशयाचेर शिक्षक आनी विद्यार्थी हांचेमदीं जाल्लो संवाद 7- 8 वाक्यांनी बरयात.** **4**

**5**

**वाठारांतल्या चार रस्त्यांचेर येरादारी संकेत ( ट्रॅफीक सिग्नल ) बसोवचे पासत विनोवणी करपी चीट येरादारी खात्याक बरयात.** **5**

**वा**

**60. सकयल दिल्ली जायरात वाचून भार्गव / भार्गवी कामत , रावता घर क्र. 315, पाटणे, मोलें- गोंय साकून सकयल दिल्ली जायरात वाचून अर्ज करात.** **5**

**गरज आसा**

**कारकून**

**शिक्षणीक पात्रताय:-** 12 वी पास.
-टंकलेखन (टायपींग)
-कोंकणी भाशेचें गिन्यान

**अणभव :-**उण्यांत उणे स म्हयने

**पुराय म्हायती सयत अर्ज करात**

**संपर्क :-** वेवस्थापक
बेताळ इण्डस्ट्रीज
वेर्णे –गोंय.

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याच एका विशयाचेर सुमार 150-200 उतरांचो निबंद बरयात. 7**

**61.** भारतीय संविधान

**62.** गोंय विज्ञान केंद्रांत एक वर

**63.** हांव खबरांपत्र उलयतां

**64.** गोंयच्यो परबो आनी एकवट

**************************THE END**************************